13th August 2026

7.20pm

नमस्कार! आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागावरवी

मुखेल खबरो

- आयज मंत्रीमंडळ बसकेत कोमुनिदादी खातीर 150 पदांची निर्मिती करपाचो निर्णय जाला, अशे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी सांगले. बसकेंत साबार म्हत्वाचे निर्णय घेतल्यात.

- राज्य पांवड्या वयल्या स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्यात, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं, उत्कृश्ट सेवेखातीर पुलीस अधिकाऱ्यांक, पदकां भेटयतले.

- कदंब येरादारी म्हामंडळान नवीन खरेदी केल्ल्या, बसींचे फाल्या 14 ऑगस्टाक सकाळी 10.30 वरांचेर, पणजे कदंब बसस्थानकार लोकार्पण जातले.

- 2027 वर्सा जावपी गोंय राज्य विधानसभा वेंचणूके खातीर, ईव्हीएम आनी व्हीव्हीपॅट मशीनांची 17 ऑगस्ट सावन तपासणी सुरू करतले.

- गोंयांतल्या सगळ्या शाळांनी फाल्या १४ ऑगस्टाक 'विभाजन विभीषिका यादस्तीक दीस' पाळचो, अशें शिक्षण खात्यान मांगलां.

केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांच्या हस्तुकी 10 सप्टेबराक पर्वरे उड्डाण पुलाचे नुतनीकरण जातले. तशेच पेडण्या पत्रादेवी हांगा आशील्ल्या हुतात्मा स्मारकाचे, केंद्रीय सरंक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हांच्या हस्तुकी 25 ऑगस्टाक उक्तावण जातले, अशी म्हायती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी आयज जाल्ल्या मंत्रीमंडळाच्या बसके उपरांत घेतिल्ल्या पत्रकार परिषदेत दिली.

मंत्रीमंडळ बसकेत कोमुनिदादी खातीर 150 पदांची निर्मिती करपाचो निर्णय जाला. जिल्लाधिकारी कार्यालयांतल्या 'क' आनी 'ड' श्रेणींतल्या कर्मचाऱ्यां खातीर, समान

केडर लागु करप, अशे थारला. तशेच, अस्तित्वांत नाशिल्ल्या 9 हजार परस चड ग्राहकांची 12 कोटींची वीज बिलाची थकबाकी, माफ करपाचो निर्णय घेतला, अशेय मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी सांगले.

हे शिवाय, ज्योती विद्यालयाच्या विद्यार्थ्यां खातीर दवोर्ली हांगा, उदका संसाधन खात्याची 2 हजार 700 परस चड चौखण मिटर जमीन दिवपाचो निर्णय, मंत्रिमंडळाच्या बसकेत जाला. अर्थिकरित्या दुबळे आशिल्ल्या कर्मचाऱ्यांच्या भरतीची जापसालदारकी समाज कल्याण खात्या कडल्यान, कार्मिक खात्याकडेन दिवपाचो निर्णय आयच्या बसकेत जाला. तशेंच जीएसटी कायदो दुरुस्ती विधेयकाक, आयज मंत्रिमंडळान मंजुरी दिल्या, अशी म्हायती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी दिली.

गोंय विधानसभेची वेंचणूक, फेब्रुवारी 2027 वर्सा जावप शक्य आसा. वेंचणुकेचे वेळापत्रक वेंचणूक आयोग जाहीर करतलो, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलां. आयज मंत्रालयात विधानसभा वेंचणुकेविशी उलयताना, तांणी ही म्हायती दिली. विधानसभेचो कार्यकाळ मार्च 2027सात सोपता. ताचे आदी विधानसभा वेंचणूक जावप, आवश्यक आसा. मजगती, वास्कोच्या राहुलकुमार बिंद ह्या विद्यार्थ्याक, घसघशाचेर बुडोन मरण आयिल्ले. ते विशी शिक्षण खात्यान, विद्यालयाक कारवायेविशी नोटीस दिल्ल्याची म्हायती मुखेलमंत्र्यांनी दिली.

पणजे पोरण्या सचिवालयामुखार जावपी राज्य पांवड्या वयल्या स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्यात, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं, उत्कृश्ट सेवेखातीर पुलीस अधिकाऱ्यांक पदकां भेटोवपात येतली. हेडकॉन्स्टेबल (येरादारी विभाग) झुबेर मोमिन हांका राष्ट्रपती पुलीस पदक, पुलीस उप-अधिक्षक (येरादारी विभाग) सुदेश नार्वेकर, पुलीस अधिक्षक गुरूदास गावडे आनी गुरूदास कदम हांका पुलीस पदक प्रदान करतले.

कदंब येरादारी म्हामंडळान नवीन खरेदी केल्ल्या, 53 आसनांच्या बसींचे फाल्या 14 ऑगस्टाक सकाळी 10.30 वरांचेर, पणजे कदंब बसस्थानकार आयोजीत कार्यक्रमात, लोकार्पण जातले. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, येरादारी मंत्री मॉविन गुदिन्हो आनी कदंब येरादारी म्हामंडळाचे अध्यक्ष आनी आमदार उल्हास तुयेंकर बावटो दाखोवन, ह्या बसींचे लोकार्पण करतले.

गोंयांतल्या सगळ्या शाळांनी फाल्या १४ ऑगस्टाक 'विभाजन विभीषिका यादस्तीक दीस' पाळचो, अशें शिक्षण खात्यान मांगलां. देशाच्या फाळणीच्या इतिहासिक म्हत्वाविशीं आणी त्या वेळच्या घडणुकांची, विद्‌यार्थ्यांमदीं जागृताय निर्माण करपाच्या उद्‌देशान, गोंय सरकारान हो निर्णय घेतला. राज्यांतल्या सगळ्या सरकारी, अनुदानित तशेंच बिगर-अनुदानित प्राथमिक, माध्यमिक, उच्च माध्यमिक आणी खाशेल्या शाळांच्या मुख्याध्यापकांनी, फाल्या आपल्या शिक्षण संस्थांनी ह्या दीसाखातीर, खासा जागृताय कार्यावळी घडोवन हाडची, अशें शिक्षण संचालनालयान मांगलां.

2027 वर्सा जावपी गोंय राज्य विधानसभा वेंचणूके खातीर, ईव्हीएम आनी व्हीव्हीपॅट मशीनांची 17 ऑगस्ट सावन तपासणी सुरू करतले. भारतीय वेंचणूक आयोगाच्या मार्गदर्शक तत्वांप्रमाण, मान्यताप्राप्त राजकीय पक्षांच्या प्रतिनिधींच्या उपस्थितीत, मशीनांची तपासणी जातली. उत्तर गोंयांत आल्तिन पणजी हांगा, फार्मासी कॉलेजीच्या चल्यांच्या हॉस्टेल इमारतीतल्या, स्ट्रॉंग रूमांत 17 ते 28 ऑगस्ट मेरेन तपासणी जातील. जाल्यार, दक्षीण गोंयांत मडगांवच्या पोरण्या जिल्हाधिकारी इमारतीच्या पयल्या माळ्यार 17 ते 31 ऑगस्ट मेरेन ईव्हीएम आनी व्हीव्हीपॅट मशीनांची तपासणी करतले. ह्या मशीनांची तपासणी करपाच्या वेळापत्रकाविशीं सगल्या मान्यताप्राप्त राजकीय पक्षांक कळीत केला. ते प्रमाण राजकीय पक्षांनी तपासणी प्रक्रियेच्या वेळार, उपस्थित रावपा खातीर आपल्या प्रतिनिधींची नेमणूक करची, अशे सांगला.

उच्च शिक्षणा खातीर केंद्राच्या INSPIRE-SHE (Scholarship for Higher Education) हे शिश्यवृत्ती येवजणे खाला, आतामेरेन गोंयच्या 37 विद्यार्थ्यांक लाव मेळ्ळा. राज्यसभेंत दिल्ले म्हायती प्रमाण, हे येवजणे खाला गोंयांतल्या लावार्थ्यांक, वट्ट 97 लाख रुपया वितरीत केल्यात. सरकारान स्पश्ट केलां, की सध्या ह्या येवजणेची उद्दिश्टां घटमूट करपा खातीर तशेच विज्ञान शिक्षण आनी संशोधनांतल्या प्राधान्यांकडेन जुळोवपा खातीर, ताची नवी रचना सुरू आसा. राष्ट्रीय पांवड्यार, 1 लाख 36 हजारां वयर विद्यार्थ्यांक हे येवजणे खाला लाव मेळा आनी आतां मेरेन 2 हजार 784 कोटी रुपयां परस चड निधी वितरित केला.

गोंयांतल्या एका केंद्रीय संरक्षित स्मारकाचेर वा पुरातत्वीय थळार, अतिक्रमण केल्ल्याची म्हायती, आयज केंद्र सरकारान राज्यसभेंत दिली. देशभरांत ३ हजार ६८८ प्राचीन स्मारकां आनी पुरातत्वीय थळा, राश्ट्रीय म्हत्वाचीं आसात. तातूंतल्या ४१४ स्मारकांचेर अतिक्रमण जाल्ल्याचें दिसून आयला. केंद्रीय संस्कृताय आनी पर्यटन मंत्री गजेंद्र सिंग शेखावत हांणी सांगलें, कि प्राचीन स्मारक आनी पुरातत्वीय थळां आनी अवशेश कायद्या खाला, अतिक्रमणां आड भारतीय पुरातत्व सर्वेक्षण योग्य कारवाय करता. तशेंच ए.एस.आयन संरक्षित स्मारक शिमेचें, geo-referencing आनी डिजिटायझेशन पुराय केलां, आनी तेविशीची म्हायती भुवन पोर्टलाचेर अपलोड केला.

15 ऑगस्ट दिसा पणजे पोरण्या सचिवालयामुखार जावपी, स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्याच्या फाटभुंयेर कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्यान, सगळ्यां नाविकांक (अत्यावश्यक सेवा दिवपी सोडून) कळीत केला, की तांणी सकाळी 7.00 ते दनपारां 12.00 मेरेन मांडवी न्हंयत, पोरण्या सचिवालया सामकारच्या लागीच्यान, येरादारी करची न्हय वा बोटी नांगरून दवरच्यो न्हय.

गोंयांत फाटले दोन दिस, काय वाठारांनी पावसान नेट धरला. आज सावन फुडले पांच दिस, काय सुवातांनी मध्यम प्रमाणात पावसाची शक्यताय आसा, अशे वेधशाळेन सांगला. वारे वराक 40 ते 50 किलो मीटर, वेगान व्हावतले. ताकालागून नुस्तेकारानी फुडलें २ दिस, खोल दर्यात वचप टाळचे. वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, पणजीत चडान चड तापमान ३० अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान २४ पूज्य ६ अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- आयज मंत्रीमंडळ बसकेत कोमुनिदादी खातीर 150 पदांची निर्मिती करपाचो निर्णय जाला, अशे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी सांगले. बसकेंत साबार म्हत्वाचे निर्णय घेतल्यात.

- राज्य पांवड्या वयल्या स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्यात, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं, उत्कृश्ट सेवेखातीर पुलीस अधिकाऱ्यांक, पदकां भेटयतले.

- कदंब येरादारी म्हामंडळान नवीन खरेदी केल्ल्या, बसींचे फाल्या 14 ऑगस्टाक सकाळी 10.30 वरांचेर, पणजे कदंब बसस्थानकार लोकार्पण जातले.

- 2027 वर्सा जावपी गोंय राज्य विधानसभा वेंचणूके खातीर, ईव्हीएम आनी व्हीव्हीपॅट मशीनांची 17 ऑगस्ट सावन तपासणी सुरू करतले.

- गोंयांतल्या सगळ्या शाळांनी फाल्या १४ ऑगस्टाक 'विभाजन विभीषिका यादस्तीक दीस' पाळचो, अशें शिक्षण खात्यान मांगलां.

इतल्यान ह्यो प्रादेशिक  खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागाचे, मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले, फाल्या सकाळी ७ वरा जावन २५ मिनटांचेर. नमस्कार!